# मुख्यमंत्र्यांन आयज मडगांवा ऊस उत्पादकांची बसका घेतली

ता. १ ऑगस्ट 2021

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आयज दक्षीण गोंयांत ऊस उत्पादक शेतकारांवांगडा बसका घेतली. बसकेत उलयताना मुख्यमंत्र्यान ऊस उत्पादकांची उरिल्ली रक्कम फारिक करपाचे आनी हेर समस्यां सोडोवपाखातीर सरकारावतीन सकारात्मक कृती करपाचे उतर दिले.

माथानी साल्दाना प्रशासकीय प्रकल्पात जाल्ल्या बसकेत मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी राज्यांतल्या ऊस उत्पादक शेतकारांक दिवपात येवपी ऊसाचो दर देशातल्या हेर राज्यांच्या तुलनेत चड आशिल्ल्याचे सांगून सरकारान अधिसूचीत केल्ले प्रमाण शेतकारांक दर फारिक करतले, म्हणपाचे सांगले आनी संजीवनी साखर कारखान्याच्या पुनरुज्जीवनाखातीर सरकाराक सहकार्य करपाची मागणी केली.

उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर हांणी शेतकारांच्या समस्य़ांचेर योग्य उपाय काडपाखातीर शेतकारांनी सरकाराक सहकार्य करपाची मागणी केली.

सरकारान स्थापन केल्ल्या ऊस उत्पादक समितीचे अध्यक्ष ॲड. नरेंद्र सवाईकर, कृषी संचालक श्री. नेविल अल्फोन्सो आनी हेर बसकेक उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/658

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji